## गोंय लोक सेवा आयोग

**तिसरो माळो, शिक्षण खात्याची पोरणी इमारत, 18 जून मार्ग, गोंय फार्मसी म्हाविद्यालया लागीं, पणजी-गोंय 403001 संकेतथळः** http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 2, वर्स 2017**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमणी तारीख **24.02.2017** आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयली उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

**2**. वेवसायीक म्हाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी/ विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

**3**. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमुद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

### I. गोंय दंत म्हाविद्यालय आनी हॉस्पिटल

1. **पीरियॉडोन्टोलॉजी त व्याख्यातो (Lecturer in Periodontology) ...1 पद**

**वेतन श्रेणी**- **रू.** 15,600-39,100+5,400/- (पूर्व-सुदारीत) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक-** (i) दंतचिकित्सा कायदो 1948 च्या (1948 चो 16) वळेरींतल्या भाग I आनी भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) दंतचिकित्सेंत पदव्युत्तर पदवी म्हळ्यार मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत/ विशयांत दंत शल्यचिकित्सा मास्टर. (iii) दंत मंडळांत नोंदणी आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक-** (i) पदव्युत्तर जाल्या उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंत एका वर्साचो शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दंत म्हाविद्यालय/ वैजकी म्हाविद्यालय जंय दंत विभाग/ दंत संस्था आसा, हातूंत दंतचिकित्सेच्या संबंदीत विशेशतायेंत निबंधक/ शिकवणी दिवपी/ वरीश्ट निवासी दोतोर/प्रात्यक्षिकां दाखोवपी म्हण तीन वर्सांचो अणभव. (iii) मराठीचें गिन्यान.

### II. भलायकी सेवा संचालनालय

**2**. **कनिश्ठ अस्थीरोग शल्यविशारद ... 3 पदां**

**वेतन श्रेणी**- **रू.** 15,600-39,100+5,400/- (पूर्व-सुदारीत) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक-** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें

मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13(3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी, मेळना जाल्यार संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदविका. (iii) पदविका धारकाक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदार पदाचेर 2 वर्सांचो कामाचो अणभव (iv) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक-** मराठीचें गिन्यान.

## <u>III. मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था</u>

**3. वैजकी अधिक्षक .... 1 पद (दुसरे फावट)**

**वेतन श्रेणी**- **रू.** 15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक-** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या (1956 चो कायदो क्रमांक 102) पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या (1956 च्या कायदो क्रमांक 102) कलम 13(3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) मानसोपचारांत पदव्युत्तर पदवी/पदविका. (iii) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी धारकांक उण्यांत उणो तीन वर्सांचो कामाचो अणभव आनी संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदविका धारकांक उण्यांत उणो पांच वर्सांचो कामाचो अणभव. हो अणभव मानसोपचारांत पदव्युत्तर पदवी/पदविका मेळयल्या उपरांतचो आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक-** मराठीचें गिन्यान.

## <u>IV. गोंय अभियांत्रिकी म्हाविद्यालय</u>

**4. इलॅक्ट्रोनिक्स आनी दुरसंचार अभियांत्रिकींत सहयोगी प्राध्यापक (Associate Professor in Electronics and Telecommunication Engineering) .... 1 पद (दुसरे फावट)**

**वेतन श्रेणी**- **रू.**37,400-67,000+9,000/- (पूर्व-सुदारीत) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय-**

**आवश्यक-** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची योग्य त्या क्षेत्रांत पीएच. डी वा तत्सम. (पीएच. डी विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन दिवपी आनी पीएच. डी उपरांतचे प्रकाशन आशिल्ली व्यक्ती आसल्यार चड बरें). (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची संबंदीत शाखेंत पयलीं श्रेणी सयत बी.ई/बी.टॅक आनी एम.ई/एम.टॅक वा बी.ई/बी.टॅक वा एम.ई/एम.टॅक हातूंत तत्सम (iii) शिकोवप/ संशोधन/ उद्देग हातूंत उण्यांत उणो 5 वर्सांचो अणभव तातूंत 2 वर्सांचो पीएच. डी उपरांतचो अणभव आसल्यार बरें. (iv) कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिक-** मराठींचे गिन्यान.